Panaji Regional
15th September 2025 7.25am

पुस्तकांचे मनशाकडेन इस्ट, तत्वद्न्य आनी मार्गदरशकाचे नाते आसता अशे केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हाणी केंद्रीय साहित्य अकादमी आणि पी.जी. कामथ फाउंडेशन हाणी जोड रित्या एर्नाकुलमात भारत हॉटेलात घडोवन हाडिल्ल्या "लोक आणि पुस्तका" कार्यक्रमात उलयतना सांगले. सुमार 55 मिनटांच्या उलोवपांत राज्यपाल आर्लेकार आपल्या महाविद्यालयाच्या काळांतल्यो काय घडणुको सांगल्यो. ताच्या महाविद्यालयाचे ग्रंथपाल विजय हजारे हांणी वाचपाची आवड आपल्याभितर कशी रुजयली हाची याद तांणी केली.

गोवा बागायतदार सहकारी खरेदी आनी विक्री संस्था ही गोंयांतली एक नामनेची आनी मुखेल सहकारी संस्था आसा आनी हे संस्थेन सदांच आपल्या सभासदांच्या हिताची जतनाय घेतल्या अशें ह्या संस्थेचे अध्यक्ष नरेंद्र सावईकर हांणी सांगले. ते काल फोंडा वाठारात गोवा बागायतदार सहकारी संस्थेच्या ६१ वे वर्सुकी सर्वसादारण सभेंत उलयताले. फाटलीं जायतीं वर्सां ह्या सोसायटीक अ वर्ग ऑडिट क्लास मेळटा आनी वांगड्यांक १६ टक्के डिव्हिडंड जाहीर केला अशेंय तांणी सांगले. शिरोडा फाट्यांक उत्कृश्ट बाजार पुरस्कार फावो जालो, जाल्यार पारंपारीक आनी आधुनीक शेती एकठांय करून जायतीं वर्सां शेतकी आनी बागायतीचें वेवस्थापन करपी पेडणेच्या शेखर लक्ष्मण पराष्टेकाराक 'उत्कृश्ट बागायतदार २०२५' पुरस्कार दिवन भोवमान केलो. संस्थेचे कार्यकारी संचालक उल्हास उमर्ये हांचो तांच्या निवृत्ती निमतान भोवमान केलो. बागायतदार संस्थेचे आयज १० हजारा वयर वांगडी आसात आनी वट्ट भाग भांडवल ७ कोटी रुपया इतले आसा. हे संस्थेंत ४३८ कर्मचारी कायम सेवेंत आसात. ही संस्था फाटलीं जायतीं वर्सां राज्यांतली एक नामनेची सहकारी संस्था म्हूण नामनेक पावल्या.

कल्पका कल्चरल असोसिएशना वतीन बोड्डयां दिवचलेच्या श्री महामाया देवळाच्या सभाघरांत केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांच्या हजेरेंत आयतारा ओणम उत्सव आयोजीत केल्लो. ह्या कार्यावळीक दिवचलचे आमदार डा चंद्रकांत शेट्ये आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. कोमुनिदाद जमिनींतलीं घरांअधिकृत करपा विशीं राज्यांतल्या २ कोमुनिदादिनी आमसभा आपयल्या. थिवी आनी आसगांव कोमुनिदादीची आमसभा २८ सप्टेंबर दिसा जातली.

कोमुनिदाद जमिनींतली अनधिकृत घरां वा अनधिकृत बांधकामां अधिकृत जाले उपरांत कसले परिणाम जातले, हाचेर वांगडी विचार करतले,

कोमुनिदाद जमिनींतलीं २८ फेब्रुवारी २०१४ आदलीं अनधिकृत घरां वा बांधकामां अधिकृत करपा खातीर सरकारान कोमुनिदाद कोडांत दुरुस्ती करपी विधेयक संमत केलें. ह्या विधेयकाक कॉंग्रेस सयत हेर विरोधी पक्षांनी खर विरोध केलो. तरी सरकारान हें विधेयक संमत केलें. राज्यपालांनी मान्यताय दिल्यार आता विधेयकाचे कायद्यात रूपांतर जालां.

महाराष्ट्रातल्या रानातलो एक हत्ती वाट चुकुन गोंयच्या शीमेर पावला. ड्रोन सिग्नलावरवी हत्तीच्या हालचालींचेर राना खात्याची नदर आसा, अशी माहिती मुखेल रान संरक्षक नवीन कुमार हांणी दिली. हत्ती दाट जंगलात आशिल्ल्यान ताचो पत्तो कळपाक कठीण जालां. ग्रामस्थांनी भिरांत बाळगुची न्हय. हत्तीक परतून मुळ थळाचेर पावोपाचे यत्न सुरू आसा. गोंयचे राना खाते महाराष्ट्र राना खात्याच्या संपर्कात आसा, अशी माहिती मुखेल राना संरक्षक नवीन कुमार हांणी दिली. इतले मजगती मोपा वाठारात हत्तीक लागून लोकांमदी भिरांत पातळ्या.

बोडगिणी, म्हापश्यां 350 एमएम तांकीच्या स्तलांतरीत उदकाच्या पायपाचें भितरलें कनेक्शन जोडणीचें काम मंगळारा 16 तारखे आसगांव,हणजूण- कायसूव, पर्रा, हडफडें- नागवा ह्या पुराय पंचायत वाठारांततशेंच कळंगूटेच्या कांय वाठारांनी मर्यादीत उदकाची पुरवण जातली.

सध्या म्हापशें ते कळंगुटेवेल्या गांधी चौक ते बोडगिणी मजगतीं रस्तो रुंदीकरणाचें काम सुरू आसा. बोडगिणीच्या साकवा कुशीक आशिल्लें उदकाचें पायप खात्यान कांय अंतराचेर स्तलांतरीतकरपाचो निर्णय घेतला. ही सुमार 15 ते 20 मीटर अंतराचीं पायपांस्थलांतरीत जातलीं. ह्या उदकाच्या पायपांक भितरल्यान कनेक्शन दितले. हें काम खातें मंगळारा 16 सप्टेंबराक एका दिसान करतलें.हाका लागून ह्या दिसा वयर दिल्ल्या गांवांनी मर्यादीत उदकाची पुरवण जातली, अशी भौशीक नोटीस पेयजल खात्याच्या कार्यकारी अभियंत्या वतीन जारी केल्या.

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 28 **degrees celcius** आनी उण्यात उणे तापमान **24 degrees celcius** इतले आसतले.

कल्ब टेनीस द गास्पार डायस, गोंय टेबल टेनीस असोसियेशनच्या जोड पालवान अखील गोंय मुखेल मानांकन टेबल टेनिस सर्त १७ तें २१ स्प्टेंबर मजगतीं घडोवन हाडतली. ही सर्त मिरामार क्लबाच्या संकुलांत जातली.